# <u>आंतरराष्ट्रीय बालिका दीस मनयलो</u>

ता. 12 ऑक्टोबर 2021

भलायकी सेवा संचालनालयाच्या राज्य कुटुंब कल्याण मंडळान बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयाच्या जोड पालवान गोंय मनोरंजन संस्थेच्या ऑडिटोरियम सभाघरात आयोजीत कार्यक्रमात “आंतरराष्ट्रीय बालिका दीस” मनयलो.

कार्यक्रमाक भलायकी सचीव श्री. व्ही. व्ही. जे. राजशेखर , बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयाच्यो संचालिका श्रीमती दिपाली नाईक, भलायकी सेवा संचालक डॉ. आयरा आल्मेदा, मुखेल भलायकी अधिकारी डॉ. राजेंद्र बोरकर आनी जीव्हीके च्यो प्रमुख श्रीमती सुषमा सैनी उपस्थित आशिल्ल्यो.

कार्यक्रमात मानेस्तांच्या हस्तुकीं मंडळान आयोजीत केल्ल्या सर्तींच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली. “लिंग समानताय” विशयावयल्या जायरात फिल्म तयार करपाच्या सर्तीचे पयले इनाम संतोष शेटकर, दुसरे इनाम संघर्ष वळवईकर आनी तीसरे इनाम साईनाथ उजगांवकर हांका भेटयले. “चली भुरग्याचे म्हत्व” ह्या विशयाचेर आयोजीत लघूपट सर्तीचे पयले इनाम श्रीमती युवेंदा फर्नांडिस, दुसरे इनाम संजय सालेलकर आनी तीसरे इनाम मुकुंद मळगांवकर हांका भेटयले.

तशेंच मानेस्तांच्या हस्तुकीं “म्हाका जगू दी आनी परजळू दी” ह्या कवीता पुस्तकाचे विमोचन जालें. तशेंच गुरवार बायलो आनी ल्हान भुरग्यांच्या आवयांक मुफत भलायकी सेवा दिवपा खातीर सुरक्षीत मातृत्व आस्वासन येवजणेखाला सुरू केल्ल्या 104 हेल्पलायन सेवेचोय शुभारंभ केलो.

ह्या वेळार उलयताना भलायकी सचीव श्री. व्ही. व्ही. जे. राजशेखर हांणी म्हणलें, गोंयांत आमकां सगळ्यांक समान हक्क आसा, जाव मागीर तो चलो आसू वा चली आसू. समाजात चली भुरग्याच्या सुरक्षेखातीर बेटी बचाओ, बेटी पढाओ, पोशण अभियान ह्या सारखे साबार कार्यक्रम आयोजीत करपात येता. चली भुरग्याच्या उदरगतीखातीर भलायकी सेवा संचालनालय आनी बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयान एकामेकाच्या सहकार्यान काम करपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

श्री. उमेश खोलकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. उपरांत पुरस्कार प्राप्त लघूपट प्रदर्शीत केलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/850

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji